# बूथ स्तरीय अधिकारी

## ई-पत्रिका




चुनाव का पर्व
DESH KA GARV
LOK SABHA ELECTION 2024

Volume 10

चुनाव का पर्व
DESH KA GARV
LOK SABHA ELECTION 2024

आमच्या देशांत वेंचणुको हो फकत एक उत्सव न्हय; दरेकी भारतीया खातीर ही अभिमानाची गजाल आसा. भारत वेंचणूक आयोगान 'चुनाव का पर्व, देश का गर्व' (वेंचणूक : सगळ्यांत व्हडलो उत्सव आनी राष्ट्राचो अभिमान) हे संकल्पने सयत संसदीय वेंचणूक 2024 चें घोशवाक्य (थीम) योग्य तरेन दवरला. मतदारां मदीं प्रबोधन आनी जनजागृताय करूंक 14 वो राष्ट्रीय मतदार दीस-2024 ह्या दिसा ह्या थीमाचें अनावरण केलां. हातूंत वेंचणुकांच्या बळीश्ट स्वरुपाचेर भर दिवन व्यक्तींक तांचे अधिकार आनी जापसालदारक्यो पुराय करूंक बळगें दिलां, तशेंच संवसारीक पावंड्यार भारतीय लोकशायेचें सन्मानीत स्थान लेगीत दाखयलां. दूरदर्शन, रेडिओ, सोशल मिडिया आनी कम्युनिटी आवटरीच हाचे सारकिल्ल्या विविध माध्यमांचो वापर करून मतदार जागृताय वाडोवपा खातीर ही मोहीम व्यापक 360 डिग्री दृश्टीकोण आपणायता.

**#NothinglikeVoting**

**#IVoteforSure**

**#MeravoteDeshkeliye**

## संपादकीय समिती

एन.एन. बुटोलिया
वरिश्ठ मुखेल सचीव
(मतदार वळेरी)

अशोक कुमार
संचालक (आयटी)

कुलदीप कुमार सहरावत
संचालक (प्रशिक्षण),
आयआयआयडीइएम

एस. सुंदर राजन
संचालक (एव्हीएम)

दिपाली मसिरकर
संचालक
(वेंचणूक नियोजन)

संतोष अजमेरा
संचालक (स्वीप)
वांगडी संयोजक

## संपादकीय टीम

आर के सिंग
स्वीप समन्वयक

अनुज चंदाक
जोड संचालक मिडीया
(स्वीप)

रजनी उपाध्याय
संचारण सल्लागार

ईशा खान
ग्राफिक डिझायनर

# मीता दिदीक मेळात ओडिशांतली बीएलओ मॅस्कट




हॅलो, हांव मीता! सगळे म्हाका मीता दिदी म्हूण वळखतात. हांव ओडिशाच्या बूथ स्तरीय ऑफिसराची प्रतिनिधी. वेंचणूक साक्षरतेक चालना दिवपा खातीर आनी नागरिकांक मतदानाचो मूलभूत हक्क वापरूंक प्रोत्साहीत करपा खातीर हांव प्रतिनिधी आसां. विविध संपर्क कार्यावळी, संवादसत्रां आनी शिक्षणीक साहित्य आसलें तरी मतदानाचं आनी वेंचणूक प्रक्रियेचें म्हत्व हांवें यशस्वीपणान पटोवन दिलां आनी म्हजे सारकेच दरेकी बीएलओ लोकशायेचो दीपस्तंभ म्हूण उबो आसा, वेंचणूक प्रक्रियेंतली समावेशकता, शिक्षण आनी संलग्नतेच्या तत्वांक म्हूर्त रूप दिता. ते वेंचणूक प्रक्रियेचे संस्कृतीक चालना दितात.

ते वेंचणुकेंतलो सहभाग आनी जागृकतेचे संस्कृतीक चालना दितात, जें तोखणाय करपा सारकें आसा आनी देशभरांत लोकशाय वाडोवपा खातीर नाविन्यपूर्ण दृश्टीकोणाचो आदर्श निर्माण करतात.

लोकसभा वेंचणूक 2024 लागीं पावतना, सगळ्या मतदारांक सोंपेंपणान मतदान करूंक मेळचें हाचे खातीर बीएलओंनी तयारी करप आनी चडान चड प्रयत्न करप म्हत्वाचें आसा. दरेकी बीएलओ आप-आपल्या वाठारांतल्या मतदारां मदीं 'ईज ऑफ वोटींग' हे संकल्पनेचो प्रभावीपणान प्रचार कसो करूंक शकता, हाचेर चर्चा करपा खातीर हांव हांगा आयलां. सुरवेक आमी मतदार वळेरेंत आपलें नांव, मतदार कशे तपासूंक शकतले हाचो प्रचार करून सुरवात करूया.

- तांच्या बीएलओक भेट दिवन, ते ऑफलायन मतदार वळरेंत आपलें नांव तपासूंक शकतात.
- मतदार हॅल्पलायन ॲप डावनलोड करून वा मतदार सेवा पोर्टलाचेर (https://tmp.eci.gov.in/voters-services-portal) वचून ते आपलें नांव ऑनलायन तपासूंक शकतात.
- ते 1950 (ईसीआय<space><एपीक क्रमांक>) चेर एसएमएस धाडूंक शकतात. ही सेवा एयरटॅल, जिओ आनी वोडाफोन नॅटवर्काचेर उपलब्ध आसा.
- बीएलओन आप-आपल्या बुथा वयल्या ग्रामपंचायत/ नगरपंचायत आनी चुनाव पाठशाळांतली मतदार वळेरी वाचूंक जाय.
- मतदानाच्या दिसा मतदारांच्या मजती खातीर बुथा वयल्या हॅल्प डॅस्काचेर बीएलओ उपलब्ध आसप गरजचें आसा.
- बीएलओन ताच्या मतदान केंद्राच्या वाठारांतल्या दरेकी घराब्यांत मतदानाच्या तीन दिसा पयलीं, मतदार मार्गदर्शक पुस्तिका आनी मतदार स्लीप वांटप गरजेची आसा.



मीता दिदी: आतां तरणाटे, ज्येश्ठ नागरीक, बायलां, नवविवाहीत, तृतीयपंथी व्यक्ती, दिव्यांग व्यक्ती (पीडब्ल्यूडी), विशेशपणान दुर्बळ आदिवासी गट (पीव्हीटीजी), भोंवते सॅक्स वर्कर्स आनी हेरांचो आसपाव आशिल्ल्या आमच्या लक्ष्यीत प्रेक्षकां प्रमाणें आमचो संदेश तयार करप भोव गरजेचो आसा.

मतदार वळेरेंत अदमासान 1 कोटी 85 लाख मतदार (18 ते 19 वर्सां पिराये मदले) आसात, ही अदमासीत गजाल आसा. आमच्या सहकारी बीएलओंचे प्रयत्न आतां दिसूंक लागल्यात. आमचें फुडलें कार्य दरेकी पात्र युवा मतदाराक मतदान करपा खातीर प्रोत्साहीत करप आसा. सध्याच्या उदासीनतायेचेर मात करपा खातीर मतदार शिक्षणा वयले सर्जनशील पोस्टर्स, टीवी, आनी हेर उपक्रम दरेकी मतदारा मेरेन पावोवंक जाय.

## भारत वेंचणूक आयोगाचे मोहिमे विशीं तुमकां खबर आसा?

# #MeraPhelaVoteDeshkeliye



18 ते 19 वयोगटांतल्या कमी मतदानाचें हें एक मुखेल कारण आशिल्ल्याचें दिसून आयिल्ल्यान, वेंचणूक आयोगान तरणाट्यांचे वेंचणुके विशींच्या उदासीनतायेच्यो गंभीर कागाळी पयस करपा खातीर

#MeraPhelaVoteDeshkeliye

सुरु केल्यात. ही अद्वितीय मोहीम विशेश रुपान पयलेच फावटी मतदान करप्यांक लक्ष्य करता आनी संवसारांतले सगळ्यांत व्हडले लोकशायेंत वेंचणुकेचें म्हत्व आनी मतदानाच्या अभिमानाचें प्रतीक आसा.

## तुमकां खबर आशिल्लें ?

वेंचणुकेंत वांटो घेवपाचे तुमचे उदासीनतायेची ही घडणूक आसा जंय तरणाट्यां मदीं मतदान प्रक्रियेंत निरर्थकता, प्रेरणा वा वांटो घेवंक उणाव दिसता. मतदान प्रक्रियेंतली निरर्थकता /विश्वास नासप आनी युवा मतदारांत 'हमारे एक वोट से क्या होगा' ही कथीत धारणा अशा साबार घटकांच्या संगमाक लागून ही घडणूक घडल्या. ते शिवाय, दीसपट्ट्या कामकाजा परस मतदानाच्या दिसा मतदान करुंक प्राधान्य दिवपा विशीं आनी सुटी म्हूण घेवपा विशींय उदासीनताय आशिल्ल्याचें दिसून आयलां. शुक्रारा मतदान जालें जाल्यार खुबश्या लोकां खातीर तो 'लाँग वीकॅण्ड' थारता. तो सुटयेचो दीस न्हय तर “मतदानाचो दीस” आसा हाचे विशीं तरणाट्यांक प्रेरीत करपाची आनी वेंचणुकेचें कर्तव्य करपाची, जाणीव निर्माण करपाची चड गरज आसा.



उत्तर प्रदेशांतल्या कमला कन्वॅण्ट स्कूल, आलम नगर, मोहन रोड, 171, लखनौ पश्चिम, हांगासल्ले बीएलओ रमेश बक्श, हांचो देखदिणो 'यूथ टू बूथ' हांव तुमकां सांगतां. लखनौ जिल्ल्यांतली मतदार वळेरी 2024 च्या विशेश नियाळाच्या वेळार तांच्या प्रयत्नांक लागून 18 ते 19 वयोगटांतल्या चडांत चड 34 मतदारांचीं नावां मतदार वळरेंत आसपावीत केलीं. तांच्या ह्या समर्पणाची पावती म्हूण लखनौ, उत्तर प्रदेश हांगा 25 जानेवारी 2024 दिसा 14व्या राष्ट्रीय मतदार दीस-2024, च्या निमतान जाल्ल्या राज्य स्तरीय समारंभांत तांचो सत्कार केल्लो.

# 85 वर्सां वयले ज्येश्ठ नागरीक आनी दिव्यांग हांचे खातीर लक्ष्यीत हस्तक्षेप

दिव्यांग व्यक्तींचे सोयी खातीर भारत वेंचणूक आयोगान सक्षम ॲप हें मोबायल ॲप्लिकेशन विकसीत केलां. दिव्यांग वा चलप /शारिरीक कार्यां कमी जाल्ल्या पात्र व्यक्तीक स्वताक दिव्यांग व्यक्ती म्हूण घोशीत करून मतदार वळेरेंत नांव नोंदणी करूं येता. हें ॲप्लिकेशन सगळ्या दिव्यांग मतदारांक तांच्या घरा मेरेन वचपा खातीर विविध सुविधा उपलब्ध करून दिता.




तातूंतल्यो कांय सकयल दिल्यातः

- नव्या मतदार वळख पत्र नोंदणीची मागणी
- निवासस्थान हस्तांतरणाची मागणी
- नामो अद्यावत करपाची मागणी
- मतदानाच्या दिसा व्हीलचॅराची मागणी
- वेंचणूक लडोवपी उमेदवारांची वळेरी



ज्येश्ठ नागरिकांक आनी दिव्यांगांक मतदानाची खात्री करपा खातीर कमीत कमी सुविधा आनी तांकां व्हडा संख्येन भायर सरून आपलो लोकशाय अधिकार वापरुंक प्रोत्साहीत करप. तशेंच 85 वर्सां वयले ज्येश्ठ नागरीक आनी बेंचमार्क प्रमाणपत्र आशिल्ल्या दिव्यांगांची मतदान केंद्राचेर वेगळी रांक लागता, ताका लागून चड प्रतीक्षा करपाची गरज आसना. बीएलओन दिल्लो 12डी फॉर्म भरून घरांतल्यान मतदान करप/पोस्टल बॅलट सुविधा वापरपाचो पर्यायूय ते वापरुंक शकतात.

# मतदान केंद्राचेर उण्यांत उण्या सुविधांची हमी








विधानसभा वेंचणुकेंत ज्येश्ठ नागरीक आनी दिव्यांग व्यक्ती (पीडब्ल्यूडी) हांकां सुविधा दिवपाची तेलंगणांतल्या महबूबाबाद जिल्ल्यांतल्या अब्बायीपालेम गांवांतली बीएलओ (पी.एस. क्रमांक 229) सुश्री. व्ही. संपूर्णा एक देखदिणी काणी. ती फाटल्या पांच वर्सां सावन बीएलओ म्हूण कार्यरतआसात. विशेश रुपान ज्येश्ठ नागरीक आनी दिव्यांग व्यक्तीं मदली मतदानाची टक्केवारी वाडची, हाचे खातीर तांणी सक्रीय उपाय येवजण्यो राबयल्यो आनी ह्या प्रवर्गांनी सादारण 50 टक्के मतदारांचो आसपाव निश्चित केलो. ह्या प्रयत्नांवांगडाच मतदानाच्या दिसा मतदाना खातीर आवश्यक आशिल्ल्या वळख पत्रांची माहिती दिवपी मतदार माहिती स्लीप, वळख पत्रांची माहिती दिवपी पत्रकां, तशेंच c-Vigil आनी तेलुगू भाशेंतली मतदार माहिती मार्गदर्शक पुस्तिका हांचें वांटप हांकां लागून मतदान केंद्राचेर मतदानाची टक्केवारी वाडूंक मजत मेळ्ळी.

मीता दिदीः मतदान केंद्रांनी स्वयंसेवक आनी आवय आनी भुरग्यांची काळजी घेवपा खातीर वेगळ्या कुडींची वेवस्था करून बायलां खातीर सुविधाय सुरक्षीत आसात. एक समर्पीत सुविधा तांच्या मतदानाचो अणभव सोबीत आनी कार्यक्षम आसा हाची खात्री करता.







whatsapp आनी instagram आनी Facebook सारकल्या हेर सोशल मडियिा प्लॅटफॉर्मा वरवीं तुमच्या इश्टांक आनी कुटुंबांक मतदान करूंक कळोवंक विसरूं नाकात.



मुळाव्या स्तराचेर कांय काणयो खरेपणीं प्रेरणा दिवपी कथा आसात ज्यो म्हाका आनीक खर कश्ट करपाक आनी खंयचोच मतदार चुकचो ना हाची जतनाय घेवंक प्रेरणा दितात. हातूंतल्यो कांय काणयो हांव तुमकां सांगतां; त्यो तुमकांय प्रेरणा दितल्यो हाची म्हाका खात्री आसा.



44-सेबलिया-1, 29-खेडब्रह्म मतदारसंघांतल्या स्नेही चिराग विनुभाई हांकां गुजरातांतल्यान उत्कृश्ट बीएलओ (राज्य पांवड्यार) पुरस्कार फावो जालो.



शिमेचेर वशिल्लो आनी आदिवासी समाजाची वस्ती आशिल्लो सेबालिया गांव गुजरातांतल्या साबरकांठा जिल्ल्यांतल्या पोशिना तालुक्यांत आसा. ह्या वैविध्यपूर्ण आनी दुर्गम वाठारांत चिरागभाई स्नेही हांणी बीएलओ म्हूण म्हत्वाची भुमिका केल्या. दरेकी पात्र नागरीक मतदान करपा खातीर नोंदणीकृत आसा आनी तांचे लोकशाय हक्क वापरपाचें म्हत्व समजून घेता हाची खात्री करपा खातीर भुगोलीक आडमेळीं आनी सांस्कृतीक मतभेद पयस करुन ताणें समाजा भितर सक्रीय रितीन गुंतोवन घेतलां. चिरागभाई स्नेही हांणी मतदार शिक्षण मोहीम, नोंदणी मोहीम, जागृताय कार्यशाळा हांचे सयत साबार आवटरीच कार्यावळी आयोजीत केल्यात.

तशेंच, ज्या वाठारांनी माहिती आनी संसाधनां मेळप मर्यादीत आसात, थंय चिरागभाईन मतदार नोंदणी सुलभ करपा खातीर नाविन्यपूर्ण पद्दती वापरल्यात. तांच्या यत्नांचो परिणाम म्हूण तांणी घराघरांनी कार्यावळींतल्यान 41 नव्या मतदारांची आनी मतदार वळेरीच्या स्पेशल समरी रिविजन वेळार 49 नव्या मतदारांची येसस्वीपणान नोंदणी केल्या. ते भायर, मतदार वळेरेंत सुदारणां करपाच्या आपल्या वावरांत, ताणें 72 फॉर्म-7 अर्जांचेर प्रक्रिया करून, डुप्लिकेशन आनी तार्कीक त्रुटी प्रभावीपणान पयस केल्यात. दरेकाचें मत आयकून घेवचें हे खातीर चिरागभाईन चड समावेशक आनी लोकशाय समाज घडोवपा खातीर खास येत्न केल्यात. अभिनव आनी तोखणाय करपा सारके पद्दतीन आपलीं कामां करपी अनुकरणीय बीएलओचें एक चमकदार उदाहरण म्हूण तो वावुरता. अभिनव आनी तोखणाय करपा सारके पद्दतीन आपलीं कामां करपी अनुकरणीय बीएलओचें ते एक ज्वलंत देख म्हूण वावुरतात.



आनीक एक काणी म्हणल्यार चार्ल्स रेड्डी रॉड्रिग्ज, 32-बाणावली विधानसभा मतदारसंघ, गोंय. सातत्यान आपल्या कर्तव्या खातीर समर्पीत आशिल्ल्या श्री. रॉड्रिग्ज हांणी तळमळीन घरा-घरांनी भेट दिवन मतदारां विशीं सर्वसमावेशक माहिती एकठांय केल्या. डुप्लिकेट मतदारांची पडताळणी करपाचें तांणी प्रभावीपणान वेवस्थापन केलां, तशेंच 2024 वर्साच्या स्पेशल समरी रिविजना वेळार पात्र मतदारांची तपासणी आनी अद्यावत नोंदी केल्यात.

आपल्या बीएलओ कर्तव्यां खातीर व्हड उमळशीक दाखोवन ताणें एस.एस.आर. 2023-24 वेळार वेगवेगळ्या स्वीप कार्यावळींनी सक्रीय वांटो घेतलो. हातूंत 32-बाणावली विधानसभा मतदारसंघा खातीर ए.ई.आर.ओ. वतीन आयोजीत केल्ल्या जागृताय रॅलींत वांटो घेवप, तशेंच मतदान विशयांचेर पोस्टर आनी घोशणा सर्ती हे सारकिल्ल्या कार्यावळींचें संयोजन करूंक हांचो आसपाव आशिल्लो.

श्री. रॉड्रिग्ज हांणी 32-बाणावली विधानसभा मतदार संघांतल्या भाग क्रमांक 20 खातीर त्रुटी मुक्त मतदार वळेरी 100 टक्के फोटो अद्ययावत करपाची आनी कसल्याय त्रुटींचेर ताकतीकेन उपाय काडपाची जतनाय घेतल्या. तशेंच तांणी वेळार चेकलिस्ट घेवन आपल्या मतदारसंघांत 19 ते 19 वर्सां पिरायेच्या गटांत चडांत चड मतदारांची नोंदणी केल्या, जाल्यार गरजेच्या मतदार सुदारणांचें सक्षमपणे वेवस्थापन केलां.

तशेंच तांणी 32-बाणावली विधानसभा मतदारसंघा खातीर ए.ई.आर.ओ च्या कार्यालयांत आपल्या वांगडी बीएलओं खातीर बीएलओ अॅपाचेर व्यापक सत्र घेतलें. बरी वागणूक, विनयशील वागणूक आनी उत्साही द्श्टीकोणा खातीर फामाद आशिल्ल्या श्री. रॉड्रिग्ज हांणी आपल्या मतदारसंघांतल्या आपल्या पर्यवेक्षक आनी मतदारां कडेन सकारात्मक संबंद वाडयल्यात. श्री. चार्ल्स रेड्डी रॉड्रिग्ज हांकां उत्कृश्ट बीएलओ पुरस्कारा खातीर नामांकन मेळ्ळां आनी राज्यांतल्या बीएलओं खातीर तें एक बरी देख आसात.



## बीएलओंनी प्रसार करपा खातीरची आनीक एक म्हत्वाची माहिती मतदाना खातीर एपीक कार्डा वांगडाच पर्यायी वळखपत्रां कडेन संबंदीत आसा.

### मतदाना खातीर वापरूं येता अशीं आनीक वळखपत्रां आसात

- मतदार वळखपत्र (एपीक)
- आधार कार्ड
- पॅन कार्ड
- युनिक डिसॅबिलीटी आयडी (यूडीआयडी) कार्ड
- सेवा वळख कार्ड
- बँक/टपाल कार्यालयाचो पासबूक
- भलायकी विमो स्मार्ट कार्ड (श्रम मंत्रालय)
- वाहन चालक परवानो
- पासपोर्ट
- एनपीआर खाला आरजीआयन जारी केल्लें स्मार्ट कार्ड
- पॅन्शन दस्तावेज
- खासदार / आमदार / विधान परिशद वांगड्यांक जारी केल्लें अधिकृत वळखपत्र
- मनरेगा जॉब कार्ड



**एकूय मतदार चुकोवचे नात, हे खातीर, सगळ्या बीएलओंनी वचनबद्द रावूंक जाय आनी आगामी वेंचणुकांनी आप-आपल्या बुथांनी मतदारांच्या म्हत्वाच्या सहभागांतल्यान आमचे यत्न स्पश्ट जातले.**